**महात्मा गांधी जयंती निमतान राज्यपालाचो संदेश**

ता. 1 ऑक्टोबर 2020

गोंयचे राज्यपाल श्री.भगतसिंग कोश्यारी हांणी महात्मा गांधी जयंती निमतान गोंयच्या लोकांक आपलो संदेश दिला. राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा, 2 ऑक्टोबराक महात्मा गांधीजींची 151 वी जयंती मनोवपात येता ही खोशयेची गजाल जावन आसा. संयुक्त राष्ट्र महासंघान 2 ऑक्टोबर हो आंतरराष्ट्रीय अहिंसा दीस म्हुण जाहीर केल्लो आसा.

महात्मा गांधीजीन आपल्या जीणेत सदाच सत्य आनी अहिंसेक म्हत्व दिले. महात्मा गांधीजीन अहिंसेच्या मार्गान सत्याग्रह केले. कायदेशीर हक्क आनी स्वातंत्र्या खातीर झगडपी संवसारातल्या फुडाऱ्यांनी तांच्या ह्या तत्वाचो स्विकार केलो.

महात्मा गांधीजीन आपल्या जीणेत स्वच्छता, नितळसाण आनी निरोगी भलायकेक म्हत्व दिले. स्वच्छ समाज आनी नितळ राष्ट्र हो तांचो मंत्र आशिल्लो. तांणी देशाच्या आत्मनिर्भरते खातीर स्वदेशी वापराचेर भर दिलो.

गरीब आनी दीनदुबळ्यांची सेवा म्हळ्यार ईश्वराची सेवा अशें ते मानताले. आयच्या ह्या कोवीड संसर्गाच्या महामारीच्या काळात आमी महात्मा गांधीजीच्या संदेशाचो उगडास करपाक जाय.

महात्मा गांधीजीच्या जंयंती दिसा आमी सगळ्यांनी तांच्या तत्वांचे आचरण करपाक कटीबध्द जावपाची गरज आसा, अशें राज्यपाल संदेशात म्हणटा.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2020/515

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA